Panaji Regional 15th January 2025 7.25am

DIP 60

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल सचीवालय प्रकल्पांतल्या नुतनीकरण केल्ल्या कायदो आनी न्याय विभाग, कायदो (आस्थापन) विभाग आनी शिश्टाचार आनी सरबराय विभाग ह्या नुतनीकरण केल्ल्या तीन कार्यालयांचे उक्तावण केले. मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू, आयुक्त/सचीव (कायदो आनी न्याय विभाग) संदीप जॅकीस, शिश्टाचार सचीव संजीत रॉड्रिग्स, अवर सचीव श्रेया डिसिल्वा, जोड सचीव अंजू केरकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

---

Rashmi 85

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला काल गोय पर्यटन खाते, गोय पर्यटन उदरगत म्हामंडळ तशेच गोय पर्यटन मळावेल्या जाळवणदारांची पर्वरे मंत्रालयात बसका जाली. ह्या बसकेत गोयच्या पर्यटनातल्या वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा जाली,पर्यटन थळांचेर कोयर उडवप्यांचेर कारवाय,पर्यटन वाठारातले रस्ते दुरूस्त करप,पर्यटन थळांचेर वचपाक खासा येरादारीचे ॲप सुरू करप,तशेंच tourism hotspot चेर वेगवेगळ्यो आवश्यक साधन सुविधा उबारपाविशी चर्चा जाली.

Sushant 120

मुरगांव बंदरात येवपी अंतरराष्ट्रिय क्रूज टर्मिनसाक लागून नविन मार्ग तयार करपा खातीर झाडां कापून पर्यावरणाचो इबाड जावचो न्हय म्हूण गोंय सरकारान हस्तक्षेप करपाखातीर आपणें केल्ली मागणी मुखेलमंत्र्यान फुडल्या कांय दिसां खातीर मानून घेतल्या म्हणपाची म्हायती मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार हाणें दिल्या.

विदेशी पर्यटकांक घेवन मुरगांव बंदरान येवपी क्रूज बोटींचो आकडो दिसान दिस वाडपाक लागिल्ल्यान साधन सुविधा वाडोपाच्या नदरेन केंद्र सरकारान नवो

टर्मिनस उबारपाचें थारायला. टर्मिनसाक जोडपी नवो म्हामार्ग बांदपाखातीर सडा - हार्बर वाठारांतली सुमार ३५० झाडां कापची पडटली. ह्या विषयाचेर उलयताना आमदार आमोणकार हाणें म्हळा, की हो विषय खुपच हुसको करपा सारखो आशिल्ल्यान पर्यावरणाचेर ताचो कसो वायट परिणाम जावपाक शकता तें मुखेलमंत्र्याक पटोवन दिला. २१ जानेराक मुरगांवाक भेंट दिवन पळोवणी करून फुडलो निर्णय घेवपाचे उतर आपणाक मुखेलमंत्र्यान दिला म्हणपाची म्हायती आमोणकार हाणें दिल्या.

Sushant 100

आपले घाणयारे उदक सरळ गटारात सोडपी २१ दुकानांक सील मारपाची कारवाय काल जिल्हा प्रशासनान केली. गोंय प्रदुषण नियंत्रण मंडळाच्या आदेशावरवी ही कारवाय हातात घेतल्या अशी म्हायती साश्टीचे मामलेदार विमोद दलाल हांणी दिली.मडगावातल्या वट्ट ४६ दुकानांक अशी नोटीस धाडल्या. तातूंत मुखेलपणान रेस्टॉरंटा आणि हेर दुकानांचो आस्पाव आसा. हांतल्या १६ दुकानांक पैर जाल्यार ५ दुकानांक काल सील मारपाची कारवाय जाली.हे नेम मोडपी दुकानांच्या मालकांक स्वेच्छेनूच आपलो वेवसाय बंद करपाची सुचोवणी दिल्या नाजाल्यार फुडली कारवाय करची पडटली अशें दक्षिण गोंयचे अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्रीनेत कोठवाळे हांणी सांगलें. ह्या दुकानांची प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी तपासणी केल्ली. ही दुकानां आपले घाणयारे उदक उक्त्या गटारांत सोडटात हे दिसून आयिल्लें.

Rashmi 140

अंदु लोकोत्सव 2025 महोत्सव 17- 26 जानेवारी ह्या काळात पणजे कला अकादमीच्या दर्यासंगम वाठारात जातलो अशी म्हायती कला आनी संस्कृती

खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या.लोकोत्सवाचो उक्तावण सुवाळो 17 जानेराक सांजेच्या 6.30 वराचेर जितलो.ह्या वेळार गोंयचो मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हण हाजीर रावतले जाल्यार राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तिनावडे हे मानाचे सोयरे म्हण हाजीर आसतले.अंदुच्या लोकोत्सवात 20 राज्यातले कलाकार आनी हस्तकारागीर वाटो घेतले,जाल्यार हातुल्ले 600 कलाकार सांस्कृतीक कलांचे सादरीकरण करतले.गोंयचे 20 कलाकारांचे पंगड अंदु गोंयचे लोकनाच तशेंच हेर कला सादर करतले अशी म्हायती मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या.

अंदु पयलेच फावट लोकोत्सवात आदीवासी कलाकृतीच्या संकल्पनेचेर आधारीत खासा विभाग आसतलो अशेय मंत्री गोविंद गावडे हांणी ह्यावेळार सांगले. तशेंच कला आनी संस्कृती खात्यावतीन दीतात ते कला गौरव आनी कला वृद्धी पुरस्काराचे वितरण 22 जानेराक जाल्यार,गोवा कला राज्य पुरस्कार आनी गोवा सृजन पुरस्काराचे वाटप 25 जानेराक कला अकादमीत जातले अशी म्हायती मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या.